## विद्याधना संबंदीं

सरोजिनी दामोदरन फावंडेशन (एस.डी.एफ) ची विद्याधन शिश्यवृत्ती कार्यावळ अर्थिक रित्या दुबळया कुटुंबातल्यान येवपी हुशार विद्यार्थ्यांक म्हाविद्यालयीन शिक्षणाखातीर आदार दिवंक दितात. विद्यार्थ्यांची निवड 10व्वी/एस.एस.सी उपरांत कठीण वेंचणी प्रक्रिये वरवीं करतात. सध्या विद्याधन कार्यावळीचो लाव मुखावयल्या राज्यांतले सुमार 3000 विद्यार्थी घेतात: केरळ, कर्नाटक, तमिळ नाडु, तेलंगाणा, आंध्र प्रदेश, गुजरात, महाराष्ट्र, आनी पुदुचेरी.
वेंचिल्ल्या विद्यार्थ्यांक फावंडेशना कडल्यान दोन-वर्सांची शिश्यवृत्ती मेळटली. ताणीं आपली बरी कामगिरी कायम दवरली जाल्यार, तांकां तांच्या आवडीच्या कित्यातूंय पदवी घेवंक शिश्यवृत्ती दितले; ह्यो शिश्यवृत्त्यो थेट फावंडेशना वतीन वा फावंडेशना कडेन नोंद आसपी भायल्या पुरस्कर्त्यां कडल्यान आसतल्यो. पदवेच्या अभ्यासक्रमां खातीर शिश्यवृत्तीची रक्कम वर्साक राज्य, अभ्यासक्रम, कालावधी इत्यादी प्रमाणें 10,000 ते 60,000 मेरेन आसतली. **वेंचून आयिल्ल्या विद्यार्थ्यांक फावंडेशनाच्या मैंटरींग कार्यावळींत भाग घेवचो पडटलो.**

### शिश्यवृत्तीच्यो कार्यावळी

उपकार करून सकयल सध्याक उकत्यो आसपी शिश्यवृत्ती कार्यावळी पळोवच्यो. संबंदीत म्हायती पळोवंक कार्यावळीचेर क्लिक करचें.

## गोंय 11वी ग्रेड कार्यावळ 2018

### शिश्यवृत्तीची रक्कम

11व्या ग्रेड खातीर शिश्यवृत्तीची रक्कम रु. 6000/वर्स आसतली.

### कोण अर्ज करूंक शकता?

कुटुंबाची वर्सुकी येणावळ रु. 2 लाख परस कमी आसपी आनी जाणें 2018 वर्सा ताची 10व्वी/एस.एस.सी ची परिक्षा पुराय केल्या आनी **गोंयचो निवासी/गोंयात शिकता अशे विद्यार्थी ह्या शिश्यवृत्ती खातीर पात्र आसात.** ताणी 10 व्वी/एस.एस.सी च्या परिक्षेत 90%वा ए1 ग्रेड लेगीत घेतिल्ली आसूंक जाय. दुबळेंपण आशिल्ल्या विद्यार्थ्यां खातीर तें 75% आसा.

### वेंचणी प्रक्रिया

एस.डी.एफ अर्जादारांच्या शिक्षणीक कामगिरी, एकंदरीत मॅरिट आनी अर्जाच्या फॉर्मांत दिल्ल्या म्हायती प्रमाणें शॉर्टलिस्ट करतले. शॉर्टलिस्ट केल्ल्या उमेदवारांक ल्हानशी परिक्षा/मुलाखती खातीर आपयतले. परिक्षेंची अचूक सुवात आनी मुलाखत शॉटर्लिस्ट केल्ल्या विद्यार्थ्यांक स्वतंत्रपणान कळयतले. पयस अंतरा वयल्यान येवपी पात्र वर्गाच्या विद्यार्थी आनी पालकांचो येरादारी खर्च एस.डी.एफ दितलो.

### म्हत्वाच्यो तारखो:

31 डिसेंबर 2018: अर्ज करपाची निमाणी तारीख
5 जानेवारी ते 15 जानेवारी 2019: परिक्षा/मुलाखत
ह्या वेळे भितर मुलाखत/परिक्षा जातल्यो. वेंचून आयिल्ल्या विद्यार्थ्यांक अचूक तारीख आनी थळ कळयतले. 5 जानेवारी 2019 सावंन विद्यार्थी हॉल तिकेट डावनलोड करून घेवंक शकतात.

**गरजेचे दस्तावेज**

मुखावयल्यो कागदपत्रांच्यो स्कॅन केल्ल्यो प्रती अर्ज करूंक गरजेच्यो आसतल्यो.

a. 10[व्वी]/एस.एस.सी गूणपत्रीका
b. फोटो
c. अधिकृत अधिका-या कडल्यान सामकें नव्यान काडिल्लें येणावळीचें प्रमाणपत्र
d. दुबळेंपणाचें प्रमाणपत्र (दुबळेंपण वर्गांत अर्ज करपी अर्जदारां खातीर)

वयर सक्तीचे आशिल्ले दस्तावेज जनरल वर्गा खातीर (a,b ,c) आनी a,b,c,d (दुबळेंपण वर्गा खातीर अर्ज करप्यां खातीर) तुमी अपलोड केल्या उपरांत अर्ज पुराय जाला अशें समजतले.

**संपर्काचो तपशील**

- खंयच्याय स्पश्टीकरणा खातीर सोमार-शेनवार ह्या कामकाजाच्या दिसांनी सकाळी 9 ते सांजचे 6 वरां मेरेन +91 7349354415 चेर एस.एम.एस करूंक शकतात.

कसो अर्ज करचो?:

1. ऑनलायन अर्ज करूंक तुमचे कडेन पर्सनल ईमेल खातें आसचें पडटले. सायबर कॅफे/डीटीपी सँटराचो ईमेल आयडी वापरचो न्हय कारण फुडारांतलीं सगळीं दळणवळणां नोंदणीकृत ईमेल आयडी चेर धाडटले. तुमचे कडेन ईमेल आयडी नासल्यार, उपकार करून www.gmail.com चेर वा हेर खंयच्याय ईमेल सेवा पुरवणकर्त्या मार्फत एक नवें खातें तयार करचें. उपकार करून फुडाराक वापरूंक ईमेल लॉगइन आनी पासवर्ड याद दवरचो.
2. नवें खातें नोंद करतना तुमकां तपशील विचारतले तो म्हणल्यार:
    a. **पयलें नांव:** उपकार करून शिक्षणीक नोंदणी प्रमाणें तुमच्या पयल्या नांवाचो उल्लेख करचो.
    b. **आडनांव:** उपकार करून तुमच्या शिक्षणीक नोंदणी प्रमाणें तुमच्या आडनांवाचो उल्लेख करचो.
    c. **ईमेल आयडी:** उपकार करून तुमच्या ईमेल नाम्याचो उल्लेख करचो आनी आमच्या कडल्यान येवपी कळोवणे खातीर हें ईमेल खातें नियमीत तपासूंक विसरचें न्हय.
    d. **विद्याधन पासवर्ड:** उपकार करून तुमी वयर तयार केल्ल्या युजर नांवा खातीर कठीण पासवर्ड वेंचात. **पासवर्ड किमान 8 वर्णांचो आसूंक जाय. तुमी ईमेल आयडी खातीर तयार केल्ल्या पासवर्डा परस हो पासवर्ड वेगळो आसूंक जाय. तुमी फुडले खेपे विद्याधन ऍप्लिकेशनांत लॉग इन करतले तेन्ना, तुमी विद्याधनाचो ईमेल आयडी आनी पासवर्ड वापरूंक जाय.** उपकार करून फुडाराक वापरा खातीर ताचो उगडास दवरचो. तुमी पासवर्ड विसरल्यार मुखेल पानांत "फॉरगॉट पासवर्ड" लिंक क्लिक करून तुमी तो परत मेळोवंक शकतात. ईमेल तुमच्या नोंद केल्ल्या ईमेल आयडीक धाडटले जे वरवीं तुमी दुसरो पासवर्ड दिवंक शकतले.
3. "एप्लाय नाव" बटणाचेर क्लिक करात. खातें क्रियाशील लिंका सयत ईमेल तुमच्या ईमेल खात्याक धाडटले.

4. उपकार करून नव्या विंडोत तुमचो ईमेल उगडचो आनी खातें क्रियाशील ईमेल उगडचो. त्या लिंकात दिल्ल्या क्रियाशील लिंकाचेर क्लिक करचें. हें खातें क्रियाशील जालें ह्या संदेशासयत आनी मुखार वचपाच्या लॉग इन सयत मुखेल पान उगडटलें.
5. उपकार करून नव्या खात्याची नोंदणी करतना वयर कृती 2 वरवीं प्रवेश केल्लें लॉगइन आनी विद्याधन पासवर्ड वापरचो.
6. तुमी लॉग इन जातकीच तुमकां मुखेल मेनू चेर "हॅल्प" लिंक दिसतलें. तुमी अर्ज करूंक, अपडेट करूंक आनी माग दवरूंक आदार आनी सुचोवण्यो वाचूंक त्या लिंकाचेर क्लिक करूंक शकतात.
7. अर्ज तयार केल्या उपरांत तुमी ताचें संपादन करूंक शकतात आनी अर्जाच्या वयर ऍडिट ऍप्लिकेशन चेर क्लिक करून बदल करूंक शकतात.
8. अर्ज पुराय जाल्या आनी सबमिट केल्या उपरांत, तुमकां “सबमिशन सक्सेसफुल” चो संदेश मेळटलो. **पूण तुमी सक्तीचे आशिल्ले दस्तावेज आनी फोटो अपलोड केल्या उपरांतूच तुमचो अर्ज पुराय जालो अशें मानतलें हाची उपकार करून नोंद घेवची**.
9. प्ली चेक युअर रेजिस्टरेड ई-मेल अँड मेसेज रेग्युलरली फॉर कोम्मुनिकेशन अँड अपडेट्स फ्रॉम SDF